**Aakashvani Panaji National Bulletin 19th October 2025 8.40 am**

PM

प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदी हाणी म्हणला की, आज पूराय जग भारताक एक विश्वासु, जापसालदार आणि लवचिक भागीदार म्हणून पळयता. इलेक्ट्रॉनिक्सपासून वरदांनिर्माण आणि ऑटोमोबाईल्सपासून मोबाईल उत्पादना मेरेन, भारतात गुंतवणुकीची लाट येता. ह्यो गुंतवणुकी भारताक जागतिक पुरवण साखळीचे एक केंद्र जावपाक मदत करता हाचेर ताणी भर दिलो. आज भारताची वाढ जागतिक संधींक आकार दिता. त्यांनी हालीच्या EFTA व्यापार कबलातीचे उदाहरण दिले, ज्या अंतर्गत युरोपीय राष्ट्रांनी भारतात १०० अब्ज डॉलर्सची गुंतवणूक केल्या Byte pm modi trade 21 secs

-------------------------------------------

PM naxal

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी म्हणला की, देश रोखडोच नक्षलवाद आणि माओवादी हिंसाचारापासून पूरायपणान मुक्त जातलो. फाटल्या ११ वर्सांत माओवादी दहशतवादाचो फुड़ो करपाक व्हड प्रगती जाली. काल सांजे नवी दिल्लीत एका टीव्ही चॅनेलन आयोजित केल्या जागतिक शिखर परिषदेत उलयताना मोदीनी हे सांगले. माओवादी दहशतवाद हो देशात तरुणांविरुद्ध एक व्हड अन्याय आणि गंभीर पाप आसा. फाटल्या दशकात हजारांनी नक्षलवाद्यांनी शरणागती पत्करली.२०१४ पासून दिशाभूल जाल्या तरणांट्यांक मुख्य प्रवाहात परत सामावून घेवपाक त्यांचे सरकार पूराय संवेदनशीलतेन काम करता. माओवादी आता विकासाच्या मुख्य प्रवाहात परततात आणि ते उघडपणान कबूल करतात की ते चुकीच्या मार्गार आशिल्ले. ही दिवाळी, माओवादी दहशतवादापासून मुक्त जाल्ले प्रदेश आनंदाचे दिवे पेटोवन खोशयेन मनयतले .

-------------------------------------------

NIRMALA GST

सुदारीत जीएसटीचो फायदो गिरायकां मेरेन पावता हाची खात्री करपा खातीर अर्थ मंत्रालय चौपन्न उत्पादनांच्या दरांचेर बारीकसाणेन नदर दवरता अशें केंद्रीय

अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलां. नेक्स्ट जेन  जीएसटी फायदे सगल्या 54 वस्तूंचेर पुरायपणान पावल्यात अशें तांणी  सांगलें. काल नवी दिल्लींत जीएसटी बचत उत्सवा विशीं म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव आनी वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांचे वांगडा संयुक्त पत्रकार परिशदेंत त्यो उलयताल्यो.   म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी , अंदूच्या नवरात्र महोत्सवांत विक्रमी विक्री दिसून आयल्या अशे नडरेक हाडलें  .  फाटल्या नवरात्र महोत्सवांत नोंद जाल्ल्या विक्रीच्या तुळेंत ह्या वर्साच्या नवरात्र हंगामांत इलॅक्ट्रॉनिक्साची विक्री 25 टक्क्यांनी वाडल्या अशे तांणी मुखार सांगलें . जीएसटी बचत उत्सवा विशीं वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी , नवरात्र हंगामांत वाहनांची विक्री वाडल्या आनी इलॅक्ट्रॉनिक्स क्षेत्रानय अशीच परिस्तिथी आसा अशे सांगलें . अशा अस्थिर जागतीक परिस्थिती मदीं देशाची वाड  बळिश्ट आसा आनी आंतरराष्ट्रीय चलन निधीन  लेगीत देशाची वाड जावपाचो अदमास 6.6 टक्क्यां मेरेन सुदारचो पडलो अशेंय  तांणी सांगलें.

-------------------------------------------

UP

उत्तर प्रदेशांत आयज सांजवेळा  अयोध्या शारांत वर्सुकी दीपोत्सव महोत्सवाचे धावे आवृत्ती खातीर माची सज्ज आसा .  फाटल्या वर्साचो विक्रम मोडपा खातीर भव्य तयारी सुरू आसा, शारभरांत 26 लाखां वयर दिवे उजवाडावपाचे आसात. अंदू विक्रमी 26 लाख 11 हजार 101 मातयेचे दिवे राम की पौडीचे 56 घाट उजवाडायतले आनी पवित्र सरयू न्हंयचे देगेर एक उस्वास घेवपा सारको देखावो तयार जातलो. ह्या दिव्यांचो उजवाडाचो चकचक संवसारीक मळार अयोध्याची आध्यात्मिक आनी संस्कृतीक भव्यताय दाखयतली. तशेंच आयज सांजवेळा जिल्लो प्रशासन आनी नगरपालिका म्हामंडळान आयोजीत केल्ली भव्य सरयू आरती जावपाची आसा.

-------------------------------------------

SPACE

भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संघटन (इसरोन ) एक म्हत्वाची शास्त्रीय सुदारणा करून आपल्या चंद्र कक्षीय चंद्रयान-2 हांणी आपल्या जहाजांतल्या शास्त्रीय उपकरणाचो उपेग करून सूर्यापसून जावपी कोरोनल मास इजेक्शन (सीएमई) च्या चंद्राचेर जावपी परिणामांचें पयलेच खेपे निरिक्षण केल्ल्याचे अशें जाहीर केलां. ह्या निरिक्षणाक लागून चंद्राच्या बाह्यमंडलांत चंद्राचें वातावरण, आनी अंतरिक्षांतल्या हवामानाच्या ताच्या पृश्ठाचेर जावपी परिणाम समजून घेवपाक मदत जातली अशें इसरोन सांगलां. GSLV-MkIII-M1 रॉकेट वापरून श्रीहरिकोटासावन 22 जुलयाक 2019 दिसा प्रक्षेपित केल्ल्या चंद्रयान-2 कडेन आठ प्रयोग पेलोड आशिल्ले.

-------------------------------------------

Railway

सणाच्या हंगामांत, केंद्रीय रेल्वे, बिहार, उत्तर प्रदेशा सयत उत्तर भारतांतल्या वेगवेगळ्या थळां खातीर 1700 परस चड खाशेली गाडयो चालिक लायता . दिवाळी आनी छठ पुजे वेळार भक्त आनी प्रवाशांची सुटसुटीत आनी सोयीस्कर प्रवास सुनिश्चीत करप हो हे कृतीचो हेत आसा मजगती नवी दिल्ली रेल्वे स्टेशनाचेर बांदिल्ल्या होल्डिंग एरियांतल्यान प्रवाशांचो अणभव खूब सुदारता अशें केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. काल रातीं रेल्वे स्टेशनाचेर उत्सवाच्या धांवपळांत मंत्री वैष्णव गर्दी वेवस्थापनाची तपासणी करताले . प्रवासी सुविधा केंद्राचो एक भाग आशिल्ल्या ह्या होल्डिंग एरियांत जायते तिकीट काउंटर आनी शौचालय आसात, जाका लागून सुमार 75 हजार लोक हाजीर आसतना लेगीत प्रवाशांची सुगम हालचाल करपाक मेळटा अशें मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें. धांवपळ आसून लेगीत रेल्वे कर्मचारी सुटसुटीत कामां आनी प्रवाशांची सोय सुनिश्चीत करपा खातीर रातभर वावुरतात अशें तांणी मुखार सांगलें. सणाकहा हंगामक लागून देशभरांत सुमार 12 हजार खाशेल्यो गाडयो चलयतात अशी म्हायती तणी दिली .

-------------------------------------------

Cnrt

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

-------------------------------------------

Afghanistan

अफगाणिस्तानाचे  प्रधानमंत्री मुल्ला मोहम्मद हसन आखुंद हानी हालींच शिमेचेर जावपी झगडीं वाडिल्ल्यान पाकिस्तानाक दोश दिवन इस्लामाबादान अफगाण प्रदेशाचें उल्लंघन करून संघर्श सुरू केला अशें सांगलां. सरकारी प्रवक्ते जबीहुल्ला मुजाहिद हांणी दिल्ले म्हायती प्रमाण अफगाण प्रधानमंत्री हांणी काल आपल्या मलेशियाच्या समकक्ष दातो' मोहम्मद अनवर इब्राहिमा कडेन दूरध्वनीचेर संवाद सादतना ही गजाल केल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत अफगाण प्रधानमंत्रीन काबूल संघर्श सोडना पूण पाकिस्तानी आक्रमणाचो आरोप केल्या उपरांत ताका जाप दिवची पडली अशें मुजाहिदान सांगलें.

-------------------------------------------

JK

जम्मू-काश्मीराचे लेफ्टनंट गव्हर्नर मनोज सिन्हा भगवान बुध्दाचे पवित्र अवशेश भारतांत हाडपा खातीर रशियेंत आसात.शाक्यमुनी बुध्दाचें भांगराळे  निवासस्थान अशें लोकप्रिय आशिल्ल्या गेडेन शेडडुप चोइकोरलिंग मठांत हे अवशेश दवरले.तांकां आदरपूर्ण नमन केल्या उपरांत प्रसार माध्यम कडेन  कडेन संवाद साधून कल्मीकियांत पवित्र अवशेशांचें प्रदर्शन जाल्ल्यान भारत आनी रशिया हांचे मदीं लोकां कडेन लोकां कडेन संबंद आनीक घट जाल्याचे पाणी सांगले .

--------------------------------------------

IMD

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत केरळ, माहे, लक्षद्वीपात उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला आनी orange alert जारी केला.

--------------------------------------------

स्पोर्ट्स

आयसीसी बायलांच्या वनडे क्रिकेट विश्वचषकांत आयज मध्य प्रदेशांतल्या इंदौर हांगाच्या होलकर स्टेडियमांत भारता आनी इंग्लंडा आड खेळटलो. भारतीय मानक वेळा प्रमाण दनपारां 3 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

--------------------------------------------